Akashwani Panaji Regional news

7.20 pm 23rd Jan 2025

360 rashmi

गोंयांक global wellness destination करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला, हया दिखेन सरकारी पावंड्यावेल्यान काम लेगीत सुरु जाला अशी म्हायती मुखेलंमत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज दिल्या. ते पयल्या india international ayurveda and wellness expo and summit 2026 च्या उक्तावण सुवाळ्यावेळार मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. हो एक्स्पो आता दर वर्सा गोंय सरकार आयोजित करतले अशी घोशणा ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला. मुखेलमंत्र्याच्या हस्तुकी आयज गोवा आर्युवेदा धोरण २०२६ चे अनावरण जाले. ह्यावेळार माचेंर पतंजली आर्युवेदाचे वेवस्थापकीय संचालक आचार्य बाळकृश्ण, राज्याचे मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु, राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, all india institute of Ayurvedaचे मुखेली पी. के प्रजापती, तशेंच राजेंद्र बर्वे हाजीर आशिल्ले.

गोंय हे पर्यटन थंळ म्हण संसारीक पावड्याचेंर फामाद आसा. हांगा येताता ते पर्यटक दोन ते तीन दिस गोंयात रावतात. मात केरळ सारख्या आर्युवदाचो प्रचार करपी राज्यात पर्यटक १७-१८ दिस रावताता. सैमान नटील्ले गोंय लेगीत हे करपाक शकता, गोंयात आर्युवेदा वेलनेस केंद्रा उबारल्यार भलायकी घटमुट करपी राज्य म्हण गोंयाक वेलनेट टुरीझमाच्या नदरेतल्यान एक आगळी वेगळी ओळक मेळटली अशे आचार्य बालकृस्ण हांणी म्हणला. देसातल्या हेर राज्याच्या तुळेत गोंयात केन्सराचे प्रमाण उणे आसा ही बरी बाब , मात गोडे मुताचे प्रमाण चड आसा. ह्या दुयेसाक पयस करपाक आर्युवेदा महत्वाची रामबाण उपाय थारुंक शकतली अशे आचार्य बाळकृश्ण हांणी म्हणला. योगा ही भारतीय आसली तरी कांय युरोपियन देश योगाची उत्पत्ती तांच्या यादेशात जाल्यात म्हण पेटंण्ट मेळोवपाक सोदतात असो हुस्को व्यक्त करतना, हे विंशी भारत सरकारान काम करप, आनी भारतीयांनी योग पद्दती आपणावन , योग पद्दती ही

भारताची कशी ती दाखोवन दिवपाची गरज आसा अशे तांणी ह्यावेळार खासा अधोरेखित केला.

नामनेचे दोतोर राजेद्र बर्वे हांणी ह्यावेळार भारतात दर एक लाख मनशातल्या ९० जणांक केन्सराचे दुयेस आसा अशे म्हणले .जाल्यार अमेरिकेत हे प्रमाण एका लाखातले ३७० जणांक केन्सराचे दुयेस जाता असी म्हायत दिली. भारतात आठळपी ७० टक्के केनस्राचे आर्युवेदा उपाचर पद्दतीन मात करु येता अशे तांणी ह्यावेळार म्हणला.हो एक्स्पो ताळगांव श्यामा प्रसादमुखर्जी स्टेडीयमाचेंर २३-२५ जानेवारी ह्या काळात आयोजित केला. ह्या परीशदेत आयप्रवेदा ओपीडी, तशेच आर्यवेदा चिकीत्साचेर दारीत ४० परस चड दालना आसात. हे शिवाय आर्युवेदा उपचार पध्तीचेंर हांगा नामनेचे तज्ञ , दोतोर मार्गदर्शन करतले. तशेंच ह्या तीन दिसाच्या काळात आर्युवेदा उपचार पध्दतीचेर संशोधन पेपर सादर करतले. ह्या कार्यावळीत आर्युवेद दोतोर, पंतजली, थसेच साबार योग समिती, आर्युवेदाचे शिक्षण घेवपी विद्यार्थी हाजीर आशिल्ले.

Rashmi 59

गोंय राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ (जीएससीईआरटी), उच्च शिक्षण संचालनालय, आनी इन्फोसिस स्प्रिंगबोर्ड हांच्या सहकार भागीदारी खाला लॅब ऑन व्हील्स चालीक लावपाच्या फांटभुयेर आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हजेरीत कुजिरा संकुलात कबलात जाली.विद्यार्थ्यांक आधुनीक डिजिटल शिक्षण, कुशळटाय विकास, आनी फुडाराक तयार आशिल्ल्या संदांचेर हाताळणी मेळोवपाचो हेतान हे शिक्षण महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हळा.

Rashmi 60

नेताजी सुभाश चंद्र बोस हांच्या जयंतीच्या फांटभुयेर आयज पणजे का ॅग्रेस हावसात नेताजी सुभाश चंद्र बोस हांका आर्गा दीवपाक कार्यावळ इयोजीत केल्ली.ह्यावेळार का ॅग्रूसचे कार्यकर्ते तशेंच सेवा दलचू कार्यकर्ते हाजीर आशील्ले.नेताजी सुभाश चंद्र बोस हांच्या फोटवाक फुला ओपुन तशेंच तांणी कूल्ल्या देशाखातीरच्या कार्याचो उगडास ह्यावेळार मानेस्तांनी केलो.नेताजी हे एक म्हान नेते आशील्ले अशे ह्यावेळार गोंय महीला का ॅग्रेसची अध्यक्षा प्रतिक्षा खलप हीणे ह्यावेळार म्हणला.

Rashmi 214

पेन्शन फंड रेग्युलेटरी अँड डेव्हलपमेंट ॲथॉरिटी (पीएफआरडीए), नवी दिल्ली हांणी राज्य पातळेचेर बँकर्स समिती (एसएलबीसी) गोंय आनी उत्तर गोंयच्या मुखेली जिल्लो वेवस्थापकाच्या सहकार्यान एसबीआय प्रशिक्षण संस्था, पणजी गोंय हांगा राज्य पांवड्यावेली आऊटरीच कार्यावळ घडोवन हाडली.ह्या का्यक्रमाक पीएफआरडीएचे वरिश्ठ अधिकारी सुश्री सुमीत कौर कपूर, कार्यकारी संचालक श्री प्रवेश कुमार सीजीएम आनी पीएफआरडीए नवी दिल्लीचे हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले. अटल पेन्शन येवजण (एपीवाय) ही 18 ते 40 वर्सां पिरायेच्या गटा मदल्या भारतांतल्या नागरिकां खातीर पेन्शन येवजण आसा. ही येवजण असंघटीत क्षेत्रांतल्या कामगारांचेर केंद्रीत आसा आनी पेन्शनाची रक्कम म्हयन्याक 1000/- ते 5000/- रुपया मेरेन आसता जी पिरायेच्या 60 वर्सां उपरांत दिवपाची आसता.गोंय राज्य पुरायपणान संतृप्त जावचें म्हणून एपीवाय येवजणे खातीर नांव नोंद करचें अशें सुश्री सुमीत कपूर कपूर हांणी आवाहन केलें. पॉवर पॉयंट सादरीकरणा वरवीं येवजणेची सविस्तर म्हायती दिली.उत्तम कामगिरी करपी बँकांक उत्कृश्टतायेचे प्रमाणपत्र वांटले.जायते सेल्फ हेल्प गट (एसएचजी) वांगडी आनी हेर नागरिकांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतलो आनी आपलो मोलादीक प्रतिसाद सांगलो. श्री गोपाळ केरकर, एलडीएम उत्तर गोंय हांच्या धन्यवाद मतान कार्यावळ सोंपली.

Jan 79

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी 'परीक्षा पे चर्चा 2026' च्या ९वे आवृत्तीत फेब्रुवारी २०२६ च्या पयल्या सप्तकांत देशभरातल्या विद्यार्थ्यां कडेन संवाद सादतले.'परीक्षा पे चर्चा 2026'चो प्रचार करपा खातीर राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या विद्यार्थ्यांनी वेगवेगळयो कार्यावळी आंखच्यो अशे ह्या विभागान कळीत केलां.

Panchayat Dip 225

थळाव्या प्रशासनाचें वेवसायीक, नागरिक केंद्रीत आनी पारदर्शक वेवस्थेंत रुपांतर करपाच्या हेतान गोंय भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्था आनी पंचायती संचालनालयान आयज पर्वरीच्या सचिवालयांत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत राज्यांतल्या सात ग्राम पंचायतींक आयएसओ प्रमाणपत्रां दिली. चिखली, केरी तेरेखोल, मेणकुरे धुमाशे, हरवालेम,

सा- मटियास, वळवय आनी सरजोरा -च्या सात पंचायतींक गोंय भौशीक प्रशासन आनी ग्रामीण उदरगत संस्था (जीपार्ड) हांणी पंचायती संचालनालयाच्या सहकार्यान आयोजीत केल्ल्या सुवाळ्यांत आयएसओ प्रमाणपत्र दिला.गोंयातल्या सगल्या 191 पंचायतींक आयएसओ प्रमाणपत्र मेळचें अशी मोख सरकारान दवरला अशे पंचायत मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी ह्यावेळार म्हणला

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत तापमान 33.4डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान डिग्री सेल्सिअस 18.4 नोंद जाला.

Sports 26

देवाबाग हांगा जाल्ल्या काणकोण तालुकास्तरीय आंतरशालेय ॲथलेटिक्स स्पर्धेत आमोणे, पैंगीणच्या बलराम निवासी विद्यालयान सगळया पिरायेच्या गटांत उत्कृष्ट कामगिरी करत वस्तादपण सर्तींत आपलो खेळा पराक्रम सिद्ध केलो